# कवी आनी कविता

शरतचंद्र शेणै




आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

AP
यदाहं जीवमि, अहमाशंसे

# कवी आनी कविता

## शरतचंद्र शेणै

### आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

**Kovi Ani Kovita** - *A collection of Konkani poems written by **Saratchandra Shennoy**, edited by **Valley Quadros** and digitally published by **Ashawadi Prakashan**.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

| | |
|---|---|
| First Edition | : 2023 |
| Copies | : NA |
| Cover | : Ashawadi |
| Layout | : Enigma, Goa |
| Pages | : 40 + 2 |
| Price | : Rs.150 |

**Contact**

**Publisher: Ashawadi Prakashan**

**Email**: ashawadi@gmail.com

**Mob/WhatsApp**: 7021967880

# शरतचंद्र शेणै

बाब शरतचंद्र शेणै हांकां 1999 वर्सा 'अंतरनाद' नांवांच्या तांच्या प्रथम कविता संग्रहाक प्रतिश्ठीत 'केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार' मेळ्ळो. 'आत्मायन' नांवांच्या तांगेल्या आन्येक कविता संग्रहाक 2010 वर्सा 'डॉ. टी.एम.ए. पै अत्युत्तम कोंकणी पुस्तक पुरस्कार' मेळ्ळो. आनी 'इदं न मम' नांवांच्या तांगेल्या नव्या कविता संग्रहाक 2018 वर्सा एक लाख रुपयांचो 'विमला वी. पै विश्व कोंकणी कविता कृती पुरस्कार' मेळ्ळो.

ह्या काव्य पुस्तकां भायर, हांचीं इतर पुस्तकां आसात 'श्रीकृष्णकथासुधा' नांवांचें शतश्लोकी काव्य, 'गीत सरोवर' नांवांचो गीतसंग्रह, 'रसिक रसायन' नांवांचो गद्य संग्रह, 'अनिश्चित' आनी 'परणें घर' अश्यो दोन नवलिका, 'लोकधन' नांवांचें लोकवेदा विशींचें परिचय पुस्तक, आनी 'रंगभूमी' नांवांचो एक नाट्यसंग्रह.

कोंकणी, मलयाळम आनी इंग्लीष भाषांनी जावन हांगेले कांय अणकार बी आसात – 'मीरा, जीवन आनी कवन' , 'श्रीकृष्णकर्णामृत' , 'श्री वेंकटेश सुप्रभात' , 'अग्नीसाक्षी' , 'Saga of the Uprooted', 'Script, a scientific contemplation', 'अग्नीसाक्षी' आनी 'सामाजिकनीतिकाव्यगुच्छः' तांचे कांय शिक्षण पुस्तक अशे – 'कोंकणी भाषा पठन सहायी' , 'मलयाळम कोंकणी क्रियापदावली' , 'अक्षरगीता' , आनी 'Better Konkani'.

केरळचें कोंकणी साहित्य संकलन आनी संपादन करून तांणी चार म्हत्वाचे संग्रह बी उजवाडायल्यात – 'साहित्य संकलन' , 'काव्योद्यान' , 'साहित्यदीप्ति' , आनी 'नंदादीप' .

**संपर्क – 9495093380 / 9495012208 Email -**
saratchandrashenoi@gmail.com

# दोन उतरां



खंयचेय वाचकाक वयले वयर अशें दिसूं येता की हें पुस्तक कवितेक समर्पित आसता. पूण तें तशें नासता. हातूंत सादारणपणान कवी, कविता, आनी दोगांय मदलें नातें अशे हे विशय आसतात तरीय, ह्यो कविता तातूंतच मर्यादीत नासतात. हाचे संबंदान सर्गेस्त मनोहरबाब सरदेसाय हांणी 02.02.1998 दिसाचे आपले चिटयेंत अशें बरयिल्लें - *"कवितेवेल्यो तुज्यो कविता जिविताचें वेगळेंच दर्शन घडयतात"*. रसीक वाचकाक स्वता जेन्ना हाचो दिश्टावो जातलो तेन्ना ही कविता आनी हो कवी दोगांय धन्य जातलीं. देखून, हें पुस्तक तश्या काव्यरसिकांक समर्पित आसता.

**- शरतचंद्र शेणै**

# मांडावळ


- कवी आनी कविता
- तिचें नांव कविता
- कवितेक
- म्हजी कविता
- कविता जल्मता केन्ना
- बळी
- भावांनू भयण्यांनू
- कवितेचें पावल
- कोण तूं
- इश्टा
- कविता सोदता राबितो
- कालची कविता
- रस्तो
- गुलाब
- प्रस्ताव
- गरोवपी
- पूर्णमद: पूर्णमिदम्
- फाल्या
- एक कथनात्मक कविता
- हे सुर्या
- महासंमेळन
- कविता करूंक
- कवितेची वेंग
- मोनो बसूंक दी
- काकुळट
- आत्मायन
- उतरां
- रसीक
- झाड
- जललिखित
- हांव
- रद्दी
- ती
- निपून
- धनी
- उतरां
- नातें
- मोल
- मौन
- अर्थ
- तत्व
- कणिका
- कणिका
- सोद
- शिंपी
- निमणी कविता

# कवी आनी कविता

सानुल्ली आसतना
कंवळ्या पांयांनी चल्ली
खळखळून हांसली
पांय निसरून पडली !
माणकुली बावली आशिल्ली
कविता, तुज्या काळजाची !

पूण धीर धिटाय येतकच
आपल्या पांयार रावली ती.
मेकळेपणान चलूं दी आतां
स्वता तिका पांखां मेळ्ळीं !
वाट तिची आडावं नाका
आनी आदार नाका तिका..

कवी तूं , फकत कवी
न्हय कोणाचो धनी बी !
कळटा तिका उतरां तुजीं
जपून राखून धरतली
उतरांचो अर्थ करपी
तीच सोदून काडटली !
काळजांतलीं उतरां तुजीं
निमाणें परजळटलीं !

# तिचें नांव कविता !

झरी कशी फुटून
जीव सगळो भिजोवन
कागतार ओततकच
आटून वता -
*तिचें नांव कविता !*

आपशीं फुलून
जीव रंगोवन
जीण परमळावन
कागतार ओंपतकच
बावन वता -
*तिचें नांव कविता !*
कोणूय सोडूं हात
कोणूय सोडूं सांगात
एकटेपणार लागी येवन
दुखाच्या खिणार त्राण दिवन
नांव घेतकच
निपून वता - *तिचें नांव कविता !*

सगलो आकार पळोवंक मेळना
सगलीं उतरां सांगूक जायना
थोडीं दिसून - थोडीं निपून -
*तिचें नांव कविता !*

# कवितेक -

म्हजे तरपेन हांसली तूं
म्हजे तरपेन रडली तूं
उतरां म्हज्या काळजांतलीं
म्हजे तरपेन उलयली -

चित्त म्हजें तापलें जाल्यार
ताचे तरपेन तापता तूं
अंतरंग कांपलें जाल्यार
खंत ताची सांगता तूं -

उडगासांची गोड रूच
म्हजे परस जाणा तूंच
ल्हानपणाची अश्रेकणी
तूंच जाणा सगली काणी -

आत्मो करी सोद तुजो
जाणा तूंच साद ताचो
मोन्नो तरी जायत कसो ?
तितलो तुजेर भरवंसो !

सगलें म्हजें तुकाच म्हळें
सगलें तुवें आयकलें
तुजें म्हजें नातें अशें
कितल्या म्हणून जल्मांचें !

# म्हजी कविता

कविता म्हजी तणा सारखी
भुंयेवेल्यान उठलेली -
दंवा वारो घेतलेली -
वोतांतल्यान पावसांतल्यान
दीस काडून वाडलेली -

कविता म्हजी भुरग्यांवरी
मेकळेपणान उलोवपी -
येद्दे व्हडल्या दर्या देगेर
शिंप्यो गुल्यो पुंजावपी -

कविता म्हजी बंजारीण
दिका-दिकांनी भोंवलेली -
गांव गांवांनी पांवलेली -
कळना तिका सोदता कितें
मेळ्ळें कितें गेलें कितें
भोंवडेंतूच रमलेली -

कविता म्हजी म्हजे सारखी
स्वता भितर शेणलेली -
उतरांतलो म्होव रुचीत
वाटे विसर पडलेली -

# कविता जल्मता केन्ना?

शंभर उतरांतल्यान एक उतर जेन्ना
मस्तिष्कांत इंगळो कशी पेट्टा,

शंभर चित्रांतल्यान एक चित्र जेन्ना
दोळ्यांचें स्फटिक चिरून
काळजाचे वणटेर नीट थापता,

शंभर चिंतनांतल्यान एक विचार जेन्ना
फाट कशीच सोडीना,

शंभर अणभवांतल्यान एक अनुभूति जेन्ना
विसरूंक कशीच जायना,

*कविता जल्मता तेन्ना..*

# बळी

कागता खातीर बळी जाल्ल्या रुखा
तुज्या कागताक आतां
जीव दितां !

म्हजे खातीर बळी जाल्ल्या कागता
तुका म्हजो आत्मो दितां !

# भावांनू भयण्यांनू -

न्हय हांव गायक कोगूळ कसो भोंवपी,
भुंये पासून पयस राबून पंचमार गावपी -

न्हय हांव गीतकार गोड गोड उतरांचो,
फूल पाकळी तोखेंवचेल्या मोव नाजूक गीतांचो -

न्हय हांव कवी भौसा पासून वेगळो,
जीविताच्या सुख-दु:खा द्वंद्वां पासून मेकळों -

मौनी न्हय, ज्ञानी न्हय,
योगी न्हय, वैरागी न्हय -
खिणाक हासून, खिणाक रडून
खिणाक झगडून, झगडीं सोडून -
मनीश हांव -
मनशां मदें -
मनशां वरी -

# कवितेचें पावल

रानांतले फातरेक जीव दिलो
रामचंद्राल्या पावलान..
म्हज्यांतल्या फातराक जीव दिला
कवितेच्या पावलान !

# कोण तूं?

आगा, तूं कोण ?
हांव तुका वळखना..
तीख कोड्डू उतरां तुजीं
आमचें कांय नातें ना..

हांव सरळ मनाचो
सोप्या उतरांचो..
खरें सांगूं?
तुजे विचार, भावना
माका समजनात..
कोण तूं?
इतलो रागेस्त !
पीडेस्त मनाचो !
काळखांत रडपी
काळीज पिंजून दाखोवपी
तत्वज्ञानी, स्थितप्रज्ञ !

परक्या,
हांवें हातांत लिखणी घेतना
म्हजे तरपेन म्हूण
तूंच कित्याक उलयता ?!

# इश्टा -

बेसन हांव चोवन चोवन
धांवत्या खेळत्या भुरग्यांनी सजल्लें
शाळेचें हें विशाल मैदान -
तुजेच वेंगेंत आसूं तें तुजें
लाख नखेत्रांचें आसमान !

लख ज्योतीचो हांसो सुर्याचो
तेज ओतूं तुज्या मनांत -
अनवळख्या पोरांलो मनमेकळो हांसो
सदांच फांकता उजवाड म्हज्यांत !
गळिल्ल्या फुलांचीं शोकगाणीं
गुंथूं तुजी सुंदर लिखणी -
म्हांताऱ्यांची मोनी व्यथा तोपून
काळीज म्हजें रे जखमी !
विरगळट्या इंद्रधोणवा खातीर
तिमय गा तूं तुजे पोले -
फाटीक थापल्लीं पोटां पळयत
आटलीं म्हजीं दूकां, तापले दोळे !

देशभक्तिगितां गायत, दोहरायत
फुलूं तुजें स्वाभिमानी हड्डें -
गोबोर जाल्लीं घरां पळयत,
काबार जाल्ले जीव पळयत,
दिसता मरूंक रे मदेंच मदें !

# कविता सोदता राबितो !

खंय राजपाटणांच्या रावळारांनी न्हय..
भरिल्ल्या दरबारांनी न्हय..
कविसंमेलनांनी न्हय..
पुस्तकांच्या पानांनी न्हय..
गावप्यांच्या जिबांनी न्हय..
आयकुप्यांच्या कानांनी न्हय..
वाचप्यांच्या दोळ्यांनी न्हय..
कवीले लिखणेरीय न्हय..
*रसिका, तुज्या काळजांत मरे*
*जाय तिका राबितो !*

# कालची कविता

फायचे कवितेक राखून हांवें
फालीं कितलीं वगडायलीं !
कालचे कविते, तूं कोपून वशी,
कागतार तुकाच गो रंगयली !

# रस्तो

रकरक वतान तापलेले भुंयेर
पांय लासत चलतना
कविता करूंक जमलेंना..

मळब माका आपयना
उबूंक तरी पांखूय ना..
सवणीं सुकणीं गायलीं तरी
कानाक सारकी वळख ना..
दोंगर, दर्या, नखेत्रां
दोळ्यांक तांची तानूय ना..
रसत्या देगेने भिकारे !
रितीं पोटां, बेठे दोळे
नागडीं सुकडीं काळगीं भुरगीं
व्हांवतीं नांकां, रडगे गळे,
हात पांय काडयो कशी
कुडां हाडां पांजरीं
मदीं मदीं झगडीं
किळांच, सवे, स्राप..
धावन येवन पांय धरून
भीक मागून विलाप..
कान दोळे तांचेर शेणले
काळजार तांणीं घोंटेर बांदले
नीद उडली, जीण कडली
कविता करूंक जमलेंना..

# गुलाब

झाडार एक फूल
कितलें सुंदर ! कितलें सोबीत !
परमळीक, नाजूक, अप्रूप !
नेणताशें काळीज ओडलां..
ताजे लागी वचून हांव राबलां..
- तें माका पळयना!

हळूच विचारलें :
*“तुजे विशीं कविता करतां ?*
*खूब खूब बरयन*
*तोखणायन, वांकाणसीन*
*नांव तुजें अमर करीन..”*
- आरे, तें माका पळयना!

मोगान भरलेलें मन दुखलें
आपडूंक गेलेलें बोट शिरलें
बोटार, हरद्यार, रगत थेंबेलें..

अखेर.. फूल माका चोयता !
हळूहळूच म्हणटा :
*“कविता करच्या मामा म्हज्या*
*मातसो दूर सरात वो !*
*भोंवर एकलो येवंचो आसा*
*वाट ताका सोडात वो !"*

# प्रस्ताव

रस्त्या मदें, रस्त्या देगेन,
आनी चौरस्त्यार बी येवेन,
व्हडा आवाजान उलयत
बरीच ताकतीक दाखोवन
अशी तशी भोंवपी पिशा -
तुजें पिशें माका दी गा !
घे म्हजी बुद्धी !
घे म्हज्यो यादी !
घे म्हजे विचार,
जाच्यांनी हांव बेजार !
आनी
घे म्हजी लिखणी,
जिचान हांव जखमी !

# `गरोवपी

बरोवपी न्हय
गरोवपी तूं !
बारीक एक उतर उडोवन
मेळत एक कविता म्हणून
असोच वाट पळोवपी..

# पूर्णमदः पूर्णमिदम्

नर हांव भुंये वयर
नश्वर एक भुंयचें पोर -
अक्षरांत बुडी मारून
अक्षरांत उडी मारून
आपणूच जालें अक्षर !

वसती म्हजी अक्षरांत
अक्षर म्हज्या अंतरंगांत
भितर भायर अक्षर आसून
हांव मात क्षर कशी ?

क्षर म्हणचें सीमित
अक्षर तें असीम
अक्षराची वळख म्हणचें
असीमाची वळख !

अक्षरांत क्षर आसत
असीमांत सीम आसत
सीमितांत असीम कशी ?

असीम म्हणचें चिरंतन सत
सीम म्हणचें भ्रम मात !

# फाल्या

फाल्या
कोणूच माका सोदचो ना
सोदल्यारूय तरी
हांव कोणाक मेळचो ना

पूण
अप्रूप एकल्याक एकदां
मेळत म्हजो आत्मो
एके कवितेंत घुसपून पडिल्लो
कांय उतरांनी
दसून राबिल्लो
भाव-विचारांनी शेणिल्लो..

आत्मो फकत
देहांतूच रावता अशें ना
ताका रावपाक
उतर पुरो
रंग वा शब्द पुरो

तो देवा सारको
वा देवूच..

# एक कथनात्मक कविता

सकाळीं उठलों, च्या पिलों
खबरा पत्र उगडून चोयलों
दांत घासून मागीर न्हालों
चटनी घेवन पोळो खेलो
परत एक पटीन च्या पिलों
चोग्या वयर कोट घालो
सदचे भाशेन कविता केली
कागदाचेर बरोवन काडली

ते भितर आखाड्यार तो पावलो
म्हजे कवितेक राकून रावचेलो
कविता मेळटकूच तो गेलो

वाराक तीन पटी तो येता
सकाळीं जिस्त आठांक पावंता
कविता मेळटकूच वता
मागीर शेजरा घरांकडेय वता
खबर ना थांगा कितें घेता
हांगा तर असल्यो कविताच दितां..

# हे सुर्या..

दर्याविलें उदक ओडून
पावस दिवंचे सुर्या,
तापय म्हजें अंतराळ
तापय म्हजो दर्या!

उखल म्हजें उदक आनी
पांवय रेंवटांनी
खंय तरी मू उबो एकलो
पावसाचो थेंबो सोदचेलो
निवय ताजी छाती
तिमय ताजी माती.

ल्हारां अशीं उठलीं म्हणून
इतलें माका खबर आसा
भितर खंय तरीच लिपून
कवितेचो दर्या आसा!
म्हजेरीच सोडलो माका तरी
हांव पावस घालचों ना
भितर उतरां उठून तुट्टलीं
कविता रूप धरची ना..
उठय माका, उठय माका,
उजवाडाच्या देवा
पेटय म्हजें हरदें आनी
तापय म्हजो दर्या..

# महासंमेळन

दर दसकांत घडटा नेमान
कवितांचें महासंमेळन !
काव्यां मेळटात सगल्या वयाचीं
वळख घेतात एकामेकाची.
खबऱ्यो सांगतात, अणभव वांट्टात,
फुडारा विशीं खंत बी उक्तायतात !
ल्हानांचें कवतूक करतात व्हडलीं
एकामेकाक तोखेतात सगलीं
जाणट्यांचो थंय सन्मान जाता
म्हांताऱ्यांक आदर बी मेळटा.

व्हडान म्हणटा आज्जी एकली -
'हांव पळे, कवीच्या काळजांत जन्मल्लीं !'
आयकून बशिल्लेक दुबाव मारता
इश्टिणे कडेन ती जाप सोदता -
'ही जाणटेली हें कितें बडबडटा ?
कागतार न्ही आमचो जन्म जाता ?'
हें आयकून तरनाटी एकली
'खूक' करून हासूंक लागली -
'कागत बीगत कसल्याक मांये ?
कंप्यूटर लॅपटॉप कांय ना कितें ?
आमी इतलीं तरनाटीं न्ही
एका मोबायलारूच जन्मल्लीं !'

# कविता करूंक

कवीकडे हे प्रश्न करतात
कविता करूंक कितें कितें जाय?

*धवें फुल्ल कागत जाय ?*
*काळे साये लिखणी जाय ?*

कागत बरें, लिखणी बरी,
पुण ताचान जायना कविता खरी..

*ऋतु वसंत येवूंक जाय ?*
*पावस नेटान पडूंक जाय ?*

आसूं नासूं सैम सुंदराय,
कविता जायना ताचान कांय..

*एकांतांत बेसूंक जाय ?*
*किण्ण शांतताय जाय ?*

ताचीय तशी गरज ना,
ताचान कवन जावंक ना..

*संकटांच्यो खबरो जाय ?*
*जिणेचे संघर्ष जाय ?*

आरे बाबा, वांचय माका !
म्हजे खातीर कसलेंय नाका !
कवी परस मनीस हांव
समेस्तांचें कल्याण जावं..

*मोग आनी मोगी जाय ?*
*विरहाचें दुःख जाय ?*

थोडें थोडें सगलें जाय,
सत्य जाय, सपन जाय,
सुखा सयत दु:ख जाय,
जीण थोडी हल्की जाय,
जाय थोडी तीक्ष्णताय,

हांचे परस चड म्हणल्यार..
भितर एक कीट जाय !

# कवितेची वेंग

कवितेचे वेंगेंत शेणलों
म्हजे माकाच विसरलों !

# मोनो बसूंक दी

मागू नाका रे कविता,
मोनो बसूंक दी आतां -

झोड आयलो, हुंवार आयलो,
जालो भुंयकांप आकांताचो
रोखड्या रोखडीं कवनां करूंक
हांव कितें, खबरां चॅनल ?

पिठ्ठो जाल्ल्या घरांक कित्या
ह्या उतरांचें पांगरूण ?
वांचलेल्यांक जाय कितें
अनुप्रासांचें सॅकरीन ?

उतर आतां फुटून येना
आसून माका खंत ना
एक बोतल रगत तरी
दिवंक पावलां मोन्यांनी
उणो थोडो पयसो तरी
दिवंक पावलां मोन्यांनी..

सारखी वळख ना तशा,
कुड्डो आनी भेड्डो कशा,
एका म्हज्या देवा कडेन

शीण काडीत लडूंक पावलां
दूकां गळयत झगडूंक पावलां..

काळखे रातीन दिवे पालोवन
वरां वरांनी एकटो बसून
काळखांतल्यान वाट काडीत
म्हज्यांतल्या मनीशपणाक
ऐन वेळार वळखूंक पावलां..

# काकुळट

कवे, तुजी काकुळट !
तुज्या कोशांतल्यान
पांखां फुटून
भायर आयिल्लीं
पिसोळीं सगलीं
दूर दूर वतात -
रसिकांचीं काळीजां सोदीत !

# आत्मायन

कविता म्हूण कविता न्हय
अंतर्मनांतले दर्यावेळेवेले
हे उणेच उतरांचे कुटके..
छंद म्हूण छंद ना
फुलां सुगंध ना
किरकोळ कुटके उतरांचे -

एकटेपणांत हे घाशीतां पुशीतां
वळखतल्ल्यांक विरकितां
वैडूर्य माणिक्य खंयचान दितलो
रस्त्यांनी भोंवपी बंजारो !

कविता म्हूण कविता न्हय
अंतरंगाच्या अटंग्या वनांतले
हे उणेच उतरांचे कुटके..
नेणटांशे वेंचलेले, झोळयेंत भरलेले
किरकोळ कुटके उतरांचे -

झोळी ही घेवन हांव वाटेन वतना
सुखदु:ख म्हाऱ्यांत येता..
सुख चिके हासून आंगाक थापतनाय
दु:खाचें मौन निर्शायिता -

तरने हे दोळे, हरवें हें हड्डें
संवसारा तथ्यांनी पेट्टा
अस्वस्थ जगजिणेंत जीव घुसमुट्टना
संथ ही झोळी उजरायतां -

खंयचे की पूर्वजन्माचे यादींतल्यान
कुटके वेंचून गांथीतां..
दोळे हे भरतना, जीव थंडेतना,
उजो काळजाचो पालवता -

काव्य न्हय, कविता न्हय
जीविता सार हें,
फुटक्या उतरांनी रचिल्लें !
आत्म्याचें सत्य हें, आत्मसंकोचान
पुरतें ना पुरतें सांगिल्लें !

## उतरां

उतरां शेवटून मारतल्या,
उतरांचें हें कितें रे केलां!
कसली गरज तुका उतरांची?
गरज तुका फकत फातरांची!

## रसीक

बंद पडलेल्या नेमाळ्याचो
पोरनो सुपुल्लो आंक हो
कशी हांवें सांबाळ्ळा !
इतलोच काळ !

मदीं एकदां उगडून पळयतां
पांचव्या पानावेली कविता -
मुदयेर थीक कश्या माथाळ्या खाला
सोबीत उतरांची
उपाट अर्थाची
सुंदर सुंदर कविता !

आनी ते तेरा वळयें सकल,
मन भुलोवणें मोगाळ नांव ..
म्हजें नांव !

## झाड

मना झाडार सपन कळे..
थोडे फुलून कवन जाले -

## जललिखित

म्हज्या शंभर सुख-संतोशांच्यो
रचल्यो हांवें
शंभर ओळी, सुंदर ओळी -
कविता पुरती जावंचे आदी
पूर्ण विराम लावंचे आदी
पुसून गेल्यो शंभरय ओळी -
वळखी-अनवळखीच्या
शंभरांल्या दूकां व्हाळांत ..

## हांव

हांव आतां ना जालां !
म्हज्या कवितांनी माका
खावन काडला !

## रद्दी

कालचें घडीत
आयची खबर
फायची कविता
परां रद्दी ?

## ती

सुचलेली कविता विसरलों
म्हणून हांव निर्शेलों -
पुण तिका म्हजी याद !
उलो मारता ती परतून परतून
लिखणी उखल उखल मेरेन !

## निपून

ह्या कोऱ्या कागताच्या
भव्य विस्तारांत खंय तरी
निपून निपून आसा
एक सुंदर कविता !

## धनी

उतरांचो मोगी
तोच उतरांचो धनी !

## उतरां

खुंटिल्लीं फुलां
पानार काडलीं -
गुंथिल्लीं उतरां
कागतार वाडलीं -

## नातें

उतरां उतरांचें नातें तशें
मनशां मनशांचें -
मातशे अंतर मदीं मदीं
भोव गरजेचे !

## मोल

एक उतर अनमोल -
चड उतरांक
ना मोल !

## मौन

उतरांचें मोल कळूक
गरज मौनाची !
मौन तोखेवंक
गरज उतरांची !

## अर्थ

आत्मो म्हज्यांत,
अर्थ उतरांत !

## तत्व

मांस लासतलें -
हाडां फुट्टलीं -
नांव पुसतलें -
उतरां उरतलीं !

## कणिका

पान मू - फूल मू - फल मू कविता !

## कणिका

रिणाच्या उतरांक उतरांचें रीण !

## सोद

शेणलेल्या उतरांचो
सोद म्हजो..

### शिंपी

कविता मू मोतीं,
कवी केवल शिंपी !

# निमणी कविता

काळोख दाटलेल्या मळबांतल्यान
झगझगत्या जोगला भाशेन
निमणी कविता सुचतना
कागताक हात लावंचों ना
लिखणी हातांत घेवंचों ना..

अर्द सपनांत जागेर येवन
दुशेर दोळे आड जावन
सपनदृश्यां दिसचे भाशेन
निमणी कविता सुचतना
ओंटां मेरेन पांवची ना
कोणाकूच सांगचों ना..

फांतोडेचे पोरसांतल्यान
धांवत्या खेळत्या वाऱ्या भाशेन
देनपाराच्या मळबार उदेवन
पळयत आसतां विरून वत्या
रंगीन पावसा धोणवा भाशेन
सांजेचे तळयेंत तोंड नियाळीत
सुद्द विसरिल्ले सैमा भाशेन
निमणी कविता सुचतना
हात लावंक सोदचों ना
उतरां विणून काडचों ना..

अकस्मात गिमा दिसान
गळत्या थंड मोत्यां भाशेन
निमणी कविता सुचतना
भुजांतल्यान पांखां फुटून
पिसोळ्या भाशेन उबतलों !
हल्को जावन हल्को जावन
वाऱ्या ल्हारार पेवंतलों !

रडत्या पोरा मुखामळार
दूकांतल्यान हळू हळूच
फुलून येत्या हांश्या भाशेन
निमणी कविता सुचतना
भुल्लुसून वतलों !
गुल्ल जावन राबतलों !
पांखाक पांख लायत फिरून
हावूंच कविता जातलों !

(अस्तंत बंगाळच्या 'शांतिनिकेतन' हांगा घडयल्ल्या **सर्वभाषा कविसंमेळनांत** सादर केल्ली कविता ही. हे कवितेचें इतर एकेवीस भारतीय भासांनी भाशांतर जावन ते ते आकाशवाणी केंद्रांतल्यान ते ते भाशेन संप्रेषण जाल्लें.) डलीं -

## आशावादी प्रकाशनाचिं डिजिटल पुस्तकां

**ई–पुसतकां** (**२००५ थावन**)

**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (२००५: कविता संकलन, कन्नड)

**लोकडावन** (कन्नड, नागरी, रोमी)

**पयणारी जर्नल** (कन्नड)

**पयणारी जर्नल** (नागरी)

**पयणारी जर्नल** (रोमी)

**सूऱ्यो उदेला** (कथा संकलन: कन्नड)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (कन्नड)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (नागरी)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (रोमी)

**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)

**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)

**नवी दिशा** (मोनिका डे' सा, नागरी)

**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, नागरी)

**शिसिफूस तेंगशेर** (शैलेंद्र मेहता, कन्नड)

**इंद्रधोणू उदेंव** (उदय म्हांबरो, कन्नड)

**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, कन्नड)

**मनस्फोट** (सियालिनी फेर्नांडीस, नागरी)

**मनाचें नातें** (फिलोमेना सांफ्रान्सिसको, नागरी)

**पडसाद** (वल्ली क्काड्रस, नागरी)

**पडसाद** (वल्ली क्काड्रस, कन्नड)

**क्याथरीन रोड्रिगसाच्यो कथा** (कन्नड)

**सांकव** (वल्ली क्काड्रस, नागरी)

**सांकव** (वल्ली क्काड्रस, कन्नड)

**आपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, कन्नड)

**आपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, नागरी)

**फांत्यापाराचें सपण** (वाल्टर नंदळिके, कन्नड)

**छाबूक आनी हेर कथा** (रोनालड मोंतेरो, कन्नड)

**सत्यकाम** (आर.एस.भासकर, नागरी)

**तांब सुरया हांव** (प्रकाश द. नायक, नागरी)

**मायी** (सरस्वती द. नायक, नागरी)

**कवी आनी कविता** (शरतचंद्र शेणय, नागरी)

**मौन शब्द** (एन. बालकृष्ण मल्या, नागरी)

## आडियो पुस्तकां (२०१८ थावन)

**कथादायज** (२५ कथा)

**सुरयो उदेता** (२७ कथा)

**मायानगरी** (३२ कथा)

**सुरयो उदेला** (२७ कथा)

**कथामृत** (२० कथा)

**लोकडावन** (कवितेंचें आडियो पुस्तक)

# आशावादी प्रकाशन

AP

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे